मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 23 ऑक्टोबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक परबीं आनी शुभकामनां भेटयल्यात आनी दिवाळीचो सण राज्यांत शांतीकाय, उत्साह आनी समृध्दी घेवन येतलो, अशी आस्त उक्तायल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा ''दिवाळीचो सण सद्‌गुणांनी वायटाचेर, उजवाडान काळखाचेर, ज्ञानान अज्ञानाचेर आनी सत्यान असत्याचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. ह्या दिसा करपात येवपी रोशणाय म्हळयार रावणाचो वध करून श्रीराम अयोध्येत परत आयिल्ल्या प्रसंगाचो उत्साह आनी उमेद जावन आसा. हो सण सगळयांक काळखातल्यान उजवाडाकडेन वचपाची वाट दाखयता. आमी सगळयांनी उजवाडाच्या मार्गान वाटचाल करूया आनी खऱ्या अर्थान स्वयंपूर्ण जावया.”

दिवाळीचो सण आमी सगळयांनी सुरक्षीत आनी पर्यावरण पुरक पद्दतीन मनोवया. पर्यावरणाचो सांबाळ करप हे आमचे कर्तव्य जावन आसा आनी त्या खातीर आमी प्रदुशणमुक्त दिवाळी मनोवपाचो प्रयत्न करूया.

दिवाळी हो खुशालकाय वाटपाचो आनी भावपणाचे नाते वाडोवपाचो सण. समाजातल्या गरीब लोकांक मोग-माया दिवन तांकाय दिवाळी सणाच्या खुशालकायेत वाटेकार करून घेवया.

गोंय राज्य प्रगतीच्या मळार नेटान पावलां मारता. आमी सगळयांनी आमच्या मदले भेदभाव पयस करून आनी सामाजीक सलोखो कायम राखून राज्याच्या उदरगतीक हातभार लावया. ह्या दिवाळीच्या सणानिमतान लोकांच्या जीणेतलो काळोख पयस जाव आनी प्रत्येकाच्या कुटुंबात उत्साह आनी भरभराटीचो उजवाड पातळू, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/571

--

Issued by
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji